**Panaji Regional Bulletin News 3rd October 2023- 7.25 Am**

**Niti Aayog - 185**

नीती आयोगाच्या राज्य सहाय्यता अभियानाअंतर्गत, महिला उद्योजकता मंच (WEP) गॉय सरकाराच्या सहकार्यान राज्य पावड्यावेली कार्यशाळा घडोवन हाडटले. ही कार्यशाळा आज सकाळी 9:30 वरांचेर गोंयच्या CSIR-National Institute of Oceanography ऑडिटोरियमांत जातली.

तातूंत स्वयं सहायता गट, सामुहीक संस्था, बायलां गट, सरकारी अधिकारी आनी खाजगी क्षेत्राचे प्रतिनिधी सयत बायला उद्देजकांचो आस्पाव जाता.

निटी आयोगांत सुरू जाल्लो हो बायलां उद्देजक मंच आतां भौशीक- खाजगी भागीदारीत रूपांतर जाला, जय बायलां उद्देजकांक एकाच सुवातेर महत्वाची म्हायती मेळटा, तातूंत सरकारी येवजण्यो, इनक्युबेटर, प्रवेगक, आनी खाजगी क्षेत्रांतल्या उद्देगां खातीर स्मार्ट मॅच, कम्युनिटी पेज आनी मार्गदर्शन मॉड्यूल हांचो आस्पाव जाता. राज्य सहाय्यता अभियानांतर्गत, केंद्र-राज्यां मदीं आदान-प्रदान तशेंच भागीदारी वाडोवपाक एक मंच मेळचो हे खातीर कार्यशाळा आयोजीत करतात. हे कार्यशाळेतल्यान डब्ल्यूईपी राज्य कार्यशाळा माळेची सुरवात जाता.

पुराय कार्यशाळेत मार्गदर्शन, ,कुशळटाय विकास, वित्त उपलब्धता आणि अनुपालन अशा विशयांचेर संवाद आनी खोलायेन चर्चा जातली. गोंयचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, नीती आयोग सदस्य डॉ. व्हीके सारस्वत, नीती आयोगचे मुख्य कार्यकारी अधिकारी बीव्हीआर सुब्रह्मण्यम, बिल अँड मेलिंडा गेट्स फाऊंडेशन, रिलायन्स फाऊंडेशन, ICAI पिरामल फाऊंडेशन, आयसीएआय (इन्स्टिट्यूट ऑफ चार्टर्ड अकाउंटंट्स ऑफ इंडिया), सिडबी, ओला फाउंडेशन सारख्या नामनेच्या संघटनांचे प्रतिनिधीय वांटो घेतले. गोंय राज्य महिला बचत गट संस्थेच्यो अध्यक्ष सुलक्षणा पी सावंत समारोप सत्राक उपस्थित आसतल्यो.

**85**

स्वयंपुर्ण गोंय ह्या उपक्रमाक तीन वर्सां पुराय जाला जागा या तीन वर्षात गोंयची सर्वांगिण उदरगत जाल्या अशे विधान मुख्यमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला. तशेंच, उद्देग, स्कीलींग, शेता, भाजयो तशेंच हेर लागवड, आनी हेर मळार गोंयची ह्या तीन वर्सांत बरी प्रगती जाला अशे मुख्यमंत्र्यानी म्हणला. जाल्पा स्वयंपुर्ण गोंय उपक्रमाक तीन वर्सां सोमारा पुराय जाली. ह्या फांटभयेर स्वयंपुर्ण मित्रांक संबोधित करपाक घेतिल्लया व्हीसीत ते उलयताले जल जीवन मिशन, ग्राम सडक, स्वामित्व येवजण, तशेंच शेतकारांखातीर वेगवेगळयो येवजण्यो तशेंच हेर मलार काम करून गोंयची सर्वांगिण उदरगत करपाक सरकाराक येस आयला अशें मुख्यमंत्र्याने म्हणला.

**115**

माडाची चुडता, कट्टयो, आणि सोण्णा हांचो पिठो करपी मशीन काल गांधी जयंतीच्या मुहूर्ताचेर मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हांचे हस्ते सुरू केले. पणजी महापालिके उप्रांतर अशे मशीन सुरु करपी मडगाव पालिका ही दुसरी पालिका थरल्या. आता बेगीनुच मडगावातल्या वेगवेगळ्या प्रभागांत जावपी असो लाकडी सामानाच्या कोयराचो विलो लावपाक अशेच आनिक एक भोवते (मोबाईल) मशीन मडगाव पालिका विकते घेतली आनी ते गाडयेर बसोवन पुराय शारात ताचो वापर करतले अशी माहिती कामत हाणी दिली.

या वेळार मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकर, उपनगराध्यक्ष दीपाली सावळ, पालिका मुख्याधिकारी गौरीश शंखवाळकर तसेच हेर नगरसेवक उपस्थित आशिल्ले. मडगाव शारात मोठ्या प्रमाणात आडसरा विकतात आणि ताची सोण्णा उघड्यार उडयतात. या कोयराचेर प्रक्रिया करपा खातीर या मशिनाचो वापर करतले अशे कामत हाणी सांगले.

**Basuri vadan- 65**

अलगुज गोवा या संस्थेन काल कला आनी संचालनालयाच्या पालवान आयज फोण्या बासरी संस्कृती वादन महोत्सवाचे आयोजन केल्ले. नामनेचे तबलापटू उल्हास वेलींगकर हांच्या हस्तूकी अलगुज नाद 'ह्या बासूरी वादन संगीत

महोत्सवाचे उक्तावण जाले. ढवळी- फोर्णेच्या भास्कर सभाघरात जाल्ल्या या महोत्सवाच्या उक्तावण सुवाळ्याक प. उल्हास वेलींगकर हांच्या वांगडा उद्योजक मोहनदास बखले कला उपासक अनंत काजरेकर तबलानवाज पं. तुळशीदास नावेलकर आयोजक संस्थेचे पदाधिकारी मनोज आमशेकर आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. आयच्या दिसभराच्या बासरी महोत्सवात प्राजक्ता नातू नारायण जावडेकर श्रीनिवास नातू मोहनदास भगत, प्रेमानंद चारी प्रशांत महाले, मनोज आमशेकर, रोहित वनकर, सौनिक वेलिंगकर आनी पं. राजेंद्र कुलकर्णी हांचे बासरी वादन जाले. तांका तबल्याचेर शशांक उपाध्ये, महेश वझे, मिलिंद परब, यशवंत पावसकर आनी मयंक बेडेकर हांणी साथसंगत केली. पुराय कार्यावळीचे निवेदन क्षिती आमशेकर हांणी केले.

**70**

(मनेचे पर्यचरणकारी, लोकसंस्कृति आचमन आनी लेखक राजेंद्र केरकार ओमच्यो हो आनी मिळ्या स्वाविशवा- एक जाहीर व्याख्यान पुराणकथा अध्ययन केंद्र (सी.एस.एम.सी) हांणी इटट्यूट मिनेसिस क्यांजा हे संस्थेच्या कॉन्फरन्स हॉला एथे यायला आयोजित केलो. खूब की नस गोय आणी पश्चिम भागवले जल, जमीन आनी मंगल हांचे राखणे खातीर सहांकाळ वावुरखी राजेंद्र केरकार कृप्यार पर्यावरणाचे एक खेडेगा राखणे, वाणी आजर म्हादयन्यच्या आंदोलनांत दिल्ले योगदान आनी जनजागृतीय समाजामुख गोंयच्या न्याचे उदक सदा शुद्ध चें आनी ताच्या प्राची केन्नास घुसमट जावयचे म्हण ताजी आजवर सातयान बावर केळाच पूर्ण जन आंदोलना घडोवन होडल्यात लाचे वर्तमानपत्रातली उजवाडा येत आशिकी बरपावक ही तांच्या सर्वकश अभ्यासाची कल्पना दिना मराठीतल्यान पुस्तको उजवाडा आल्या जिच्या आनी पश्चिम पारी खेळावेन आयास वल्लो आसा तांचो लाब गोंयच्या अभ्यासकांक जावचो या उद्देशान सीपणाम सी आनी शब्टट्यूट मिनेसिस ब्रागांझा होगी एकठांय बेवन आ शाहीर बायनाची कार्यवक भारावल्या. ताचो बाब चंडांत चड जाणानी घेवचो अरो दानय संस्थांनी मागला